# केटीसीएलः अनसंग कोरोना वॉरियर

मे 10, 2020

Written by: जान्हवी सावयकार

कदंबा येरादारी म्हामंडळ मर्यादीत (केटीसीएल) हांणी सद्याच्या कोविड-19 महामारीच्या काळांत आपल्या पुराय संघटनाच्या प्रतिमेत बदल घडोवन हाडला. केटीसीएल टीम परिश्रम करून आपली भूमिका काळजीपूर्वक सोडयल्या आनी पुरायपणान आंतर राज्य आनी दोनूय राज्याच्या आघाडीचेर सरकारी येरादारीचे नेतृत्व करता. ग्रोसरीज् ऑन व्हिल्स आसूं, विदेशी पर्यटकांक विमानतळाचेर पावोवप, राज्यातल्या दुरस्थ खेडे गांवात मास्क वाटप करप वा बस स्टॅण्ड जावं खासगी बसींची स्वच्छता करप, ही कामा कदंबा परिवारान शांतपणान केल्यात, एका अकिर्तीत नायकाच्या रूपांन ते विकसीत जाल्यात.

मध्य प्रदेश ते रतलाम मेरेन 2740 किलोमिटरचो प्रवास करून स दिसा भितर जवाहर नवोदया विद्यालायाच्या 19 विद्यार्थ्यांक दिल्लीक पावोवन आनी थंय अडकल्ल्या 13 गोंयच्या विद्यार्थ्यांक परत गोंयात हाडल्यात म्हूण श्री. सावळो परब आनी श्री. महेश कनोलकार ह्या दोन गतीशील गाडी चलोवप्यांक विशेश वालोर.

आव्हानाविशी विचारतकच, वेवस्थापकीय संचालक, श्री. व्हेनासियो फुर्तादोन सांगले, अधिकारी आनी बस चलोवपी दलाचे सदस्य हे केटीसीएलची सगळयांत व्हड शक्त जावन आसा. लोकांच्या सेवेक धाडचें पयलीं तांका सुरक्षा दिवप ही म्हजी प्राधान्यताय आशिल्ली. आमच्या कर्मचार्यां खातीर जानेवारीच्या सुरवेक व्याख्यान माळ आशिल्ली जांतूत डॉक्टर/संसाधन व्यक्तिनी आमच्या कर्मचार्यांक स्वच्छतायेचे म्हत्व पटोवन दिल्ले जे निमाणे उपेगी आनी प्रभावीपणान महामारीच्या काळांत लागू केल्ले. तांच्या क्षेत्रां भायर, सुरवेच्या काळांत अत्यावश्यक सेवा दिसांत शामील जाल्या कर्मचार्यांक घर ते कामाच्या सुवातेर येवप आनी वचप करपाक 60 बशीनी सेवा दिली. पयल्या लॉकडावनच्या उपरांत,

मागणी वाडली आनी बशींनी शिजयले जेवण आश्रीतांक वेग वेगळया निवारा गृहांत पावयले.

नागरी पुरवण संचालनालयाच्या सहकार्यान अत्यावश्यक वस्तू खातीर लोकांक जावपी त्रास कमी करपाक उपाय म्हणून एक नवी कल्पीत कल्पना "ग्रोसरी ऑन व्हिल्सा" खातीर 4 बसी समर्पित केल्ल्यो. सद्या केटीसीएल सरकारी कर्मचार्यां खातीर कामांक येवपाक प्रत्येक सीटाचेर एक व्यक्ती ह्या आधाराचेर सुमार 224 बसी सुरू केल्यात.

जेन्ना क्षेत्रांतल्या मनीसबळा विशी विचार करतकच, सरवेवस्थापक श्री. संजय घाटेन सांगले, 604 बसी चलोवपी आनी 321 कंडक्टरानी दीस आनी रात पाळीन सतत काम केल्ले तशेंच प्रशासन आनी डेपो कर्मचार्यांनी पयर्यान पाळीन काम केले. फिल्ड ड्यूटीर आशिल्ले चडशे बसी चलोवपी आनी कंडक्टर 55 वर्साच्या पिराये परस चड नाशिल्ले. तांत्रिक आनी सहाय्यक कर्मचार्यांनी डेंपोत स्वच्छता अभियान केल्ले. झाडांच्यो खांदयो बेणप, बस स्टॅण्ड आनी केटीसीएल कार्यालय निवळ करपा वांगडाच भायल्यान आनी भितरल्यान बशी स्वच्छ करपा सारकी मान्सून पूर्व कामा प्रशिक्षित कर्मचार्यांनी हातांत घेतिल्ली.

गृह मंत्रालयान दिल्ल्या मार्गदर्शक सूचनांचे म्हामंडळान सक्तीन पालन केल्ले. डेटॉल आनी लायझॉल वापरून बस स्टॅण्ड आनी बसीं स्चच्छ करताले, आनी दरेक दिसां बस सेवा सुरू करचे पयलीं सोडियम डायक्लोरायड वापरुन ब्लीच करताले. आज मेरेन हे कार्य चालूच आसा. 17 सॅनिटायझ मॅन्युएल प्रेशर पम्प विविध बस स्टॅण्ड आनी डेपोक दिल्यात. सद्या, विशेशता गोंया भायर प्रवासा खातीर बसी तयार आसात, थर्मल गन आनी सॅनिटायझ पम्प कर्मचार्यांच्या आवश्यक सुरक्षे खातीर दिल्ले आसात.

"प्रवाशी सुशेगाद पावप हे आमचे खातीर खूब म्हत्वाचे आसा. आतां मेरेन 7000 परस चड अडकल्ले विदेशी पर्यटक आनी शेकड्यांनी विद्यार्थी आनी आंतरराज्यीय पर्यटकांकडेन रेड आनी ऑरेंज कोविड-19 झोन जशे मुंबय विमानतळ, कर्नाटकांतले कासारगोड, सिल्वासा, सूरत, गुजरांतले अहमदाबाद आनी मध्य प्रदेशांतले रतलाम हांगा व्हरून पावयले. मात्शी लेगीत भूक लागल्यार खंयच्याय प्रवाशांनी बसींतल्यान देवन भायर सरचें न्हय म्हूण केटीसीएल

आंतरराज्यीय प्रवासा खातीर गरजेचे अल्पोहार आनी उदकाची लेगीत बसींत गरजेची सोय केली, " अशें श्री. फुर्तादो हाणें सांगले. आंतरराज्य प्रवास करपी वाहन चालकांक विलगीकरण करून आनी चांचणी केल्या उपरांत तांका घरा धाडटात. नकारात्मक चांचणी उपरांतूच परतून सुरवात करतात.

भौशीक येरादारी ही राज्याच्या अर्थवेवस्थेचो कणो जावन आसा आनी जो मेरेन जाता तो मेरेन गरजेची सेवा दिवप. बसी चलोवपी दलाचे सदस्या वांगडा सहकार्य करप ही दर एका नागरिकाची जबाबदारी आसा. केटीसीएल सुचीत करता की दरेकी प्रवाश्यांनी शक्य आसल्यार फेस मास्क आनी हँड ग्लोव्ज घालपाक जाय आनी तेच वांगडा सॅनिटायजराची ल्हान बाटली बरोबर घेवन भोवपाक जाय. महामंडळान तांच्या कर्मचार्यांक फेस मास्क दिल्यात आनी कर्मचार्यांक सामाजीक अंतर पाळपाक प्रोत्साहीत केला.

“सरकारी यंत्रणेन 24x7 काम केला आनी कदंबा परिवार हाचो एक भाग आशिल्ल्याचो अभिमान करता. आंतरराज्यीय प्रवासा काळांत प्रवाशी परवान्यांची वेवस्था करप हे एक व्हड आव्हान जावन आसा. हांव त्या अधिकार्यांक आनी कर्मचार्यांक सलामी दिता जांच्यानी तेवेळार कुशलतेन आनी हेर सरकारी विभागां वांगडा हात मेळोवन काम केला, तशेंच आमच्या कर्मचार्यांच्या कुटुंबान एकजुटीन काम केल्या बद्दल हे मनीसपणाचें सगळ्यांत बरें चित्र आशिल्ले," अशें घाटे हाणें सांगले.

मध्य प्रदेशांत प्रवास केल्ल्या थिवीचो श्री. सावळो परब बस चलोवप्यान सांगले की महामारीक लागून इतलो लांब प्रवास करपाची ताची तयारी नासली. “हांवे केटीसीएलांत 30 वर्सां परस चड काम केला. म्हाका म्हजी नोकरी आवडटा. आनी हांव म्हज्या सेवेच्या काळांत कन्याकुमारी, भोपाळ आनी हेर कडेन बसी चलयल्यात. व्होल्वो चलोवप आरामदायक आसा. तशेंच, राज्य शिमो ओलांडप, रेड झोनाच्या अडचणीक लागून मार्ग बदलप, सतत सुरक्षा तपासणी खातीर लांबचे लांब रांगेक रावप हे सगळें एक जिकिरीचे काम आशिल्लें. पूण हो एक खर्यांनीच अविस्मरणीय अणभव आशिल्लो. ”

धारगळचो 45 वर्सांचो श्री. महेश कनोळकार म्हणटात, "हीं भुरगीं आमच्या भुरग्यां सारकीच आशिल्ली. इतली व्हड जबाबदारी पेलप हे सुरवातेक मात्शें भिवपा सारके आशिल्लें. आमी वाळपयच्यान बेळगांव, पुणे, मालेगांव, धार ते मध्यप्रदेशांतलें रतलम मेरेन प्रवास केलो. व्होल्वो बसींत जीपीएस ट्रॅकिंग सिस्टम आसा. आमच्या अधिकार्या वांगडा आमी सतत संपर्कांत आसताले. आयज म्हाका अभिमान आनी जबाबदारी आसा अशें दिसता. सरकारान ह्या ट्रीपीची वेवस्था वेवस्थीत केली. दर एका व्यक्तीक सुरक्षा गीअर्स आनी सेनिटायजर, जेवण आनी हेर गरजेच्यो वस्तूंची पुरवण केली. आमी जेवणा शिवाय खंयच थांबले नात. विद्यार्थ्यांनी लेगीत संयम बाळगिलो आनी सहकार्य केलें. तांच्या मातृभुमीत पावपाची तांची उमेद लेगीत आमकां परत परत प्रेरणा दिताली."

(बरोवपी माहिती व प्रसिद्धी खात्याचे माहिती सहायक आसात.)

अणकार करपीः
माधवी धारवाडकार (कनिश्ठ भांशातरकार कोंकणी)
महानंदा पागी (कनिश्ठ भांशातरकार, कोंकणी)
राजभाशा संचालनालय, पणजी गोंय.

--
DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA